# अनुसुचित जातीतल्या विद्यार्थ्यांक गुणवत्ता आदारीत शिश्यवृत्ती

ता. 9 जुलय 2018
18 आषाढ 1940

गोंय सरकारच्या समाज कल्याण खात्यावतीन एसएससी आनी एचएसएससी च्या परीक्षेत गुणवत्ता प्राप्त (मॅरीटाचेर पास जाल्ल्या) केल्ल्या राज्यातल्या अनुसुचित जातीतल्या विद्यार्थ्यांक अर्थिक शिश्यवृत्ती दितात. अर्थिक नदरेन दुर्बळ आशिल्ल्या एससी कुटुंबातल्या हुशार विद्यार्थ्यांक अर्थिक मदत दिवप हो येवजणेचो उद्देश आसा.

मार्च 2018 च्या 10 वी आनी 12 वे च्या परीक्षेत 50 टक्के ते 59.99 टक्के गुण घेतलेल्या विद्यार्थ्यांक 5000/- चो पुरस्कार, 60 ते 69.99 टक्के गुण घेतलेल्या विद्यार्थ्यांक 8000/- चे पुरस्कार 70 ते 74.99 टक्के गुण घेतिल्ल्या विद्यार्थ्याक 10,000/- चो पुरस्कार आणि 75 टक्के आनी त्यावयर गुण घेतलेल्या विद्यार्थ्याक 15,000/- चो अर्थिक पुरस्कार दिवन एससी समाजातल्या विद्यार्थ्यांचो सन्मान करतात. विज्ञान, वाणिज्य, कला आनी वेवसायिक शाखातल्या प्रत्येकी पयल्या पाच हुशार विद्यार्थ्यांक अशे पुरस्कार दितात. पुरस्काराची रोख रक्कम विद्यार्थ्याच्या बँक खात्याचेर घालतात.

पात्र विद्यार्थ्यांचे अर्ज ता. 31 ऑगस्ट 2018 मेरेन समाज कल्याण संचालनालय, 18 जून मार्ग, पणजी हांगा पावपाक जाय. अर्ज आनी चड माहितीखातीर पालवी संचालक (एसी/ओबीसी), फोन नं. 0832-2232257, 2223784, फॅक्स नं. (0832-2228172), ई मेल socialwelfaregoa@rediffmail.com हांगा संपर्क करचो.